आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

राष्ट्रीय खबरो

Date : 09/07/2025 6.30 PM

60

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी नामिबियाचो अध्यक्ष नेतुम्बो नंदी-नदैतवाह वांगडा प्रतिनिधी पांवड्यावेली उलोवणी केली. मुखेल क्षेत्रांतल्या सहकार्याच्या नव्या वाठारांचो सोद घेवन दोनूय देशां मदली अर्थीक भागीदारी आनीक घटमूट करपाचेर उलोवपांत भर दिल्लो. उर्जा सुरक्षा, भलायकी आनी वखदां अशा मुखेल मळार सहकार्य वाडोवपा खातीर दोनूय देशां मदीं जायत्यो कबलाती जावपाची शक्यताय आसा.

40

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड फाल्यां जवाहरलाल नेहरू विद्यापिठात 'भारतीय ज्ञान प्रणाली' ह्या विशयाचेर जावपी पयल्या वर्सुकी शिक्षणीक परिशदेचें उक्तावण करतले.आयुष मंत्रालयाच्या सहकार्यान ही परिशद घडोवन हाडटात . भारतीय ज्ञान प्रणाली संवसारीक पांवड्यार व्हरपाचो हे परिशदेचो हेतू आसा अशें जेएनयूचे कुलगुरू प्रा.शांतीश्री पंडित हांणी सांगलां.

75

भारतांत आतंकवादी हल्ल्या खातीर साहित्य मेळोवपाक ई-कॉमर्स प्लॅटफॉर्मांचो वापर सुरू आसा अशें जागतीक आतंकवाद अर्थीक निरिक्षण करपी फायनान्शियल ऍक्शन टास्क फोर्सन सांगलां.जम्मू-काश्मीरांतल्या पुलवामा आनी उत्तर प्रदेशांतल्या गोरखनाथ देवळांतल्या आतंकवादी हल्ल्या संबंदी ही गजाल उजवाडाक आयली. सोशल मिडिया, संदेशन ऍप्लिकेशनां आनी क्राउडफंडिंग साइट अशा डिजिटल प्लॅटफॉर्मांचो आतंकवाद्यांक अर्थीक आदार दिवपा खातीर चडांत चड गैरवापर जावपाक लागला अशें एफएटीएफान अहवालांत सांगलां. आतंकवादाक जायत्या तरांनी आदार मेळटा, तातूंत थेट अर्थीक मजत, रसद आनी भौतिक आदार वा प्रशिक्षण दिवप हांचो आस्पाव जाता.

30

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी आंतरराष्ट्रीय सहकार वर्साच्या निमतान गुजरात, मध्य प्रदेश आनी राजस्थानांतल्या सहकारी संस्थांसंबंदीत बायलां आनी हेर कार्यकर्त्यां वांगडा संवाद सादलो. हेवेळार तंणी म्हळा .(बाइट्स अमित cooperation27 sec )

तंणी मुखार म्हळा .(बाइट्स अमित cमेल मिल्क sec19 )

55

खेळो इंडिया धोरण 2025 खाला सरकार फकत प्रतिभेचो सोद घेवपा खातीर न्हय तर संवसारीक दर्ज्याच्या प्रशिक्षण आनी समाजीक सहभागावरवी ती तिगोवन दवरपा खातीर एक पर्यावरण यंत्रणा तयार करता अशें युवा वेव्हार आनी खेळां राज्य मंत्री रक्षा खडसे हांणी सांगलें. दरेक खेळगडयाच्या प्रतिभेक वाव दिवपाक आनी सगळ्यांची आकांक्षा पुराय करपाक सरकार बंदिल आसा अशे ताणी मुखार सांगलें.

45

केंद्रीय रसायन आनी सारें मंत्री j p नड्डा हांणी शेतकारांची मागणी पुराय करपा खातीर तेलंगणा सरकाराक जायतो आदार दितले अशें आश्वासन दिलां आनी गरजेप्रमाण युरियाची पुरवण सुनिश्चीत करपाक अधिकाऱ्यांक सांगलां. खरीफ हंगामाचे नदरेन जुलय आनी ऑगस्ट म्हयन्यांत युरियाची अखंड पुरवण करपाची विनंती मुख्यमंत्र्यान केल्या.

40

शिक्षण मंत्रालय फाल्यां सावन गुजरातांतल्या केवाडियात केंद्रीय विद्यापिठांच्या कुलगुरूंखातीर दोन दिसांची परिशद घडोवन हाडटा. राष्ट्रीय शिक्षण धोरण 2020 चालीक लावपाच्या पांच वर्सांचो एक भाग म्हूण ही परिशद केंद्रीय विद्यापिठांच्या मुखेल्यांक एकठांय हाडून संस्थांच्या प्रगतीचो नियाळ घेतली आनी सामुहीकपणान मुखार वचपाचो मार्ग थारायतली.

गुजरातांतल्या वडोदरात आयज पुल कोसळिल्ल्याच्या घडणुकेंत णव जाणांक मरण आयलें आनी जायते जाण जखमी जाल्यात .(bytes sp plane crash 14 sec) मजगती प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी हे घडणुकेंविशी दुख्ख उक्तायलां आनी मरण आयील्याच्या दरेका कुटुंबांक 2 लाख रुपया आनी जखमींक दरेकीं 50 हजार रुपया सानुग्रह मजत मंजूर केलां. इतले मजगती हे घडणुकेची चवकशीचो आदेश गुजराताचे मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल हांणी दिला.

25

भारतीय वायुदळाचे जॅगॉर झुजारी विमान राजस्थानांतल्या चुरू जिल्ह्या लागसार कोसळ्ळा नियमित प्रशिक्षणवेळार हें विमानाक अपघाती जालो मजगती अपघाताचें कारण सोदून काडपा खातीर चवकशी समिती स्थापन केल्या. ह्या अपघातांत दोनूय पायलट गंभीर जखमी

जाल्यात. नागरी मालमत्तेचें कसलेंच लुकसाण जाल्ल्याची म्हायती मेळूंक ना. भारतीय वायुसेनेन लोकांक मरण आयिल्ल्यान दुख्ख उक्तायलां आनी ह्या दुख्खाच्या प्रसंगात आमी तांच्या कुटुंबां वांगडा घटमूटपणान उबें आसात अशे सांगलां.

20

भारतीय हवामान खात्यान आयज छत्तीसगढ, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, आनी मध्य प्रदेशातल्या काय वाठारांनी घोग्यानी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

25

भारत आनी इंग्लंड हांचे मदीं चालू आशिल्ल्या बायलांच्या टी-20 पांच खेळामळेतलो चवथो खेळ आयज मॅनचेस्टरांत ओल्ड ट्रॅफर्ड मैदानाचेर भारतीय वेळा प्रमाण रातच्या 11 वरांचेर जातलो .

15

भारतीय दादल्यांच्या हॉकी पंगडान आयर्लंड पंगडाचेर 6आड 1 अशे जैत जोडून युरोप भोंवडेची सुरवात केली.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर